NKANI
GLISH

विश्व कोंकणी बाल साहित्य माळा

Tenali Raman
and the Proud Priest

तेनाली राम
आनी एक गर्विष्ट ब्राह्मण

KONKANI SAHITYA PRAKASHAN (R)
World Konkani Centre
Lobo Prabhu Nagar,
Konkani Bhan,
Bhaktimagar,
Mangalore,
575 016.

Tenali Raman and the Proud Priest

तेनालि राम आनी एक गर्विष्ट ब्राह्मण

Media Fusion (India) Pvt. Ltd.
© All Rights Reserved.
www.appuseries.com

No part of this publication may be reproduced, stored in or introduced into a retrieval system, or transmitted in any form or by any means (electronic, mechanical, photocopying, recording, or otherwise), without the prior written permission.

Illustrated by: Narsi. Translated in Konkani: Jaishri Shaanbhag
This Publication is sponsored by: Shri Ramadas Kamath U., Bangalore.

Subbashastri was a learned priest at King Krishnadevaraya's palace.

However, he was very proud and thought that he was better than everybody else. He was jealous of the clever Tenali Raman and always tried to insult him.



राजा कृष्णदेवरायाले आस्थानांतु सुब्बा शास्त्रि नांवाचो एक ज्ञानी ब्राह्मण आशिलो.

ताक्का आपण्याले शाणेपणा बद्दल खूब गर्व. राजाले दरबारांत आपणच सर्वश्रेष्ट अशें ताचो विचार आनी विश्वासूय. पुण भितल्य भित्तर ताक्का चतुर तेनालि रामा बद्दल पोटजाळ आशिले. खंयतरी संद मेळ्यार फुरो तेनालि रामाक अपमान करचाक पळयताशिलो.

At first, Raman ignored him. But when he couldn't stand it any longer, he waited for a chance to teach the vain priest a lesson.

सुरवातीक तेनालि रामान सुब्बा शास्त्रिले वागणूकीक निर्लक्ष्य केलें. पुण जेन्ना तागेलीं उतरां सहन जालीं ना तर ताक्का बूध शिकोवचें अशें थारायलें.

One day, the King bought some fine Persian horses for his army.

Seeing Raman standing nearby, the King gave him one horse and ordered him to take good care of it.



एक दिवस राजा आपले सैन्या खतीर सोबीत पर्शियन घॉडे खरेदि करत आशिलो.

लागीच तेनालि राम उबोराविलो. राजान एक घोडो ताक्काय दिलो आनी बरें करून ताची जतनाय करपाक हुकूम केली.

Tenali Raman gladly accepted the horse.

He decided that this was his chance to teach Subbashastri a lesson, and made his plans.

तेनालि रामान खोश्येन तो घोडो घेतलो.

सुब्बा शास्त्रीक पाठ शिकोवपाक हीच एक संद म्हण
तेनालि रामान मनांतले मनांत मांडणी घाली.

Raman built a special stable for the horse. This stable was covered from all sides and had just one small window.

Once a day, he fed the horse just one bundle of hay through this window. So, the poor horse remained hungry most of the time and would just wait to grab the hay.



तेनालि रामान आपण्याले येवजणी परमाणे त्या घोडया खतीर एक खास तबेलो तयार केलो. ह्या तबेल्याक एक ल्हान खिडकी शिवाय खंयिच दरवाजो नाशिलो.

दिसांतल्यान फक्त एक फावट त्या खिडकिंतल्यान तेनालि राम घोडयाक तण खावचा घालतालो. देखून लाचार घोडो सदांच भुकेल्लोच आसतालो, तण पळयतकच एकदम ओडून खावपाक रावतालो.

A month later, the King asked to see his Persian horses. He was pleased to find that all of them were strong and well trained.

Just then, Subbashastri asked, "But where is Raman and his horse?" Immediately a guard was sent to fetch them both.

एक म्हयन्या उपरांत राजान आपणे विकत घेतिले सर्व फारसि घोडयांक पळोवपाची इच्छा प्रकट केली सगळे घोडे घटमूट आनी प्रशिक्षित आसात हें पळोवन खूश जालो.

तेन्ना सुब्बा शास्त्रीन "पुण राजा, तेनालि रामालो घोडो हांतून दिसनामु?" म्हण सांगलें, राजान रोखडेंच तांका दोगांकूय दर्बारांत घेवनु येय्यात अशें आज्ञा दिली.

Raman quickly came to the King and said, “Your Majesty, the horse is very stubborn and will not obey me. I request you to send Subbashastri with me to the stable to help me, since he is clever and knows so much about everything.”

राम धांवत धांवत दर्बारांत येवनु "महाराज, म्हजो घोडो खूब हट्टी आसा; म्हजें उतर कांय आयकना. देखून म्हजी एक प्रार्थना आसा कि गिन्यानी सुब्बा शास्त्रीन मातशी म्हजी मदत केल्यार बरी. ताक्का म्हजे वांगडा धाडात." म्हळें.

Subbashastri was thrilled and boasted, “Yes, I know the science of horses and can easily bring it here.”

So he went with Tenali Raman to the stable.

हें आयकून सुब्बा शास्त्रीचे पाय जमनीक लागना जाले. ताची घमंडी आनीकूय फुलली. “घोडयांले बद्दल म्हाका सगळें खबर आसा. हट्टी घोडयांक कशें मनशाळप हें हांव जाणा. ह्या घोडयाक हांव एक मिनीट भित्तर हांगा हाडतां पळें.” म्हणचा लागलो.

तो तेनालि रामाले बरोबर तबेल्याकडेन चल्लो.

Once they reached the stable, Subbashastri said, "Stay away! This is no job for an ordinary jester."

He put his head through the tiny window to look at the horse. The hungry horse, thinking that the priest's long, white beard was hay, bit it hard and would not let go!

तबेल्यालागीं पावतेकीर सुब्बा शास्त्री रामाक म्हणपा लागलो – "अरे रामा, तूं दूरच राव. हाक्का हाताळप कांय सान सुमारा काम न्हंय."

मागीर तांणे घोडयाक पळोवपा खतीर आपली तकली तबेलेचे त्या बारीक खिडकींत घाली. मूर्ख आनी भुकेल्ले घोडयान सुब्बा शास्त्रीलें खाड आपण्याक खावपाक दिल्लें तण म्हण लेक्कुनु खाडाक तोंड घालून चाबडावच्याक सुरवात केली.

Poor Subbas! He was in pain and started screaming for help. Raman and a few others broke the stable.

The horse, still holding Subbashastri's beard in its mouth, came out. They all walked back to the King.

काकुळतगे बाये त्या सुब्बा शास्त्रीली! दूकीन वळवळेत बोब मारचाक लागलो. रामान आनी हेर मनशानी तबेलो कशीं तरी मोडून, फोडून काडलो.

घोडो भायर आयलो पुण सुब्बा शास्त्रीचें खाड तोंडांतल्यान एक मिनीटभर सुद्धां सोडिलना. तेचि अवस्थेंतु ते सगळे राजवाड्या दिकान आयले.

When they reached the court, everybody, including the King, burst out laughing.

However the King soon understood that this was Raman's trick. He scolded him and told him to apologize to the priest.

सुब्बा शास्त्रीची ही अवस्था पळोवन दरबारांत आशिले राजा आनी हेर दरबारींक हास आवरून घेवपाक जाल्ले ना.

राजा कृष्णदेवराय खूब समजुतदार. ताक्का तेनालि रामाली ही हिकमत सट्टने लक्षांत आयली. तांणे तेनालि रामाक तापयलें आनी जाण्टे सुब्बा शास्त्री लागीं माफी मागचाक आदेश दिलो.

But Subbashastri had learnt his lesson. Before Raman replied, he said, "No, it was my fault. I have always humiliated him, but until now he has kept quiet."

He apologized to Raman, and was never mean to anybody again.



पुण रामान तोंड सोडचे आदींच सुब्बा शास्त्रीक आपली चूक कितें ती जाणवल्ली. आनी तांणे म्हळें – "महाराज! एकंदर चूक म्हजीच. हांव सदांच रामाक अपमान करचाक सोदी आनी कशेंय तरी ताक्का सकयल पळोवंक लायतांलों. पुण तांणे मात्र म्हजे बद्दल केन्नाय कागाळ करूं ना; गप्प रावलो."

सुब्बा शास्त्रीन तेनालि रामा कडेन माफी मागली आनी हाचे मुखार कोणाकडेनूय वायट वेव्हार करना अशें वचन दिलें.

Konkani Language and Cultural Foundation
World Konkani Centre, Konkani Gaon, Shakti Nagar, Mangalore -575016
Phone: 0824-2231877 email: baraya@vishwakonkani.org,
website: www.vishwakonkani.org

KONK
ENGL

Tenali Raman
and the Proud Priest

तेनाली राम
आनी एक गर्विष्ट ब्राह्मण

The **Appu Series** bilingual books are highly recommended as an encouraging, motivating tool for parents teaching their children a second language. The children have the translation on each page which really is wonderful when you read the stories.

The **Appu Series** are beautifully illustrated and captivatingly written books which give the most realistic experience of Tenali Raman tales!

Good luck in reading stories bilingually!

Enjoy more books in our Appu Series

- Panchatantra Tales
- Hitopadesha Tales
- Akbar and Birbal Stories
- Traditional Tales
- Indian Folk Tales
- Moral Stories
- Spiritual Tales
- Jataka Tales
- Early Learning Flap Books
- Tales from Arabian Nights
- Tales from AESOPS
- Tenali Raman Tales
- Activity Books
- Picture Books
- Nursery Rhymes
- A Mahatma Called Gandhi

APPU SERIES

Media Fusion (India) Pvt. Ltd.
© All Rights Reserved
50/A3-2, Palace Road, Bangalore - 52, Tel: (080) 4112 5594, Fax: (080) 2225 4850
Email: info@appuseries.com, Web site: www.appuseries.com

₹. 35/-